आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date :05/01/2026 7.20 pm

मुखेल खबरो

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिन्ह हाणी आयज गोयांत प्रदुषण नियंत्रण जहाज – समुद्र प्रतापाचे उक्तावण केंले. हे तटरक्षक दलाचे पयले स्वदेशी बनावटीचे जहाज आसा.
मजगती हाक लागून भारतीय तटरक्षक दलाची कार्यक्षमता वाडटली आनी दर्या सुरक्षा, पर्यावरण संरक्षण आनी देशांतर्गत संरक्षण उत्पादनाक चालना मेळटली अशे मुखेलमंत्री डॉक्टरप्रमोद सावंत हाणीं म्हळां.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी आयज गोंयात प्रदूषण नियंत्रण जहाज समुद्र प्रतापचे उक्तावण केले. हे तटरक्षक दलाचे पयले स्वदेशी बनावटीचे जहाज आसा. हे जहाज दर्या प्रदुशण नियंत्रण नेम , सोद आनी बचाव कार्यात मजत करतले आनी देशाच्या खासा आर्थिक क्षेत्राचे संरक्षण सुनिश्चित करतले .सुमार ११५ मीटर लांबायेचे, हे जहाजाचे 70 टक्क्यांपरस चड घटक स्वदेशी बनावटीचे आसात आनी तातूंत हेलिकॉप्टर हॅन्गर आसात जें ताची कार्यक्षमताय वाडयतात. ह्या वेळार संरक्षण मंत्र्यान देशाच्या सामुहीक संकल्पाचें आनी दर्यावेल्या आत्मविस्वासाचें प्रतीक म्हणून ह्या तारवाची तोखणाय केली.

४,२०० टन वजनाच्या ह्या जहाजाचो वेग ताशी २२ नॉट्सपरस चड आसा आनी ते एका वेळार ६,००० नॉटिकल मैल प्रवास करूंक शकता.

मानादीक संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हंच्या हस्तकी गोवा शिपयार्ड लिमिटेडात आयसीजीएस समुद्र प्रतापचे कार्यान्वयन हो स्वदेशी जहाजबांधणी मळार एक महत्त्वचो पावन्डो आसा जाकालगून भारतीय तटरक्षक दलाची कार्यक्षमता वाडटली आनी दर्या सुरक्षा, पर्यावरण संरक्षण आनी देशांतर्गत संरक्षण उत्पादनाक चालना मेळटली .
अशे मुखेलमंत्री डॉक्टरप्रमोद सावंत हाणीं म्हळां

--

रश्मी

जाण 80
राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण दरेक शिक्षकाक आनी शाळा मुखेल्यांक वर्साक ५० वरां प्रशिक्षण गरजेचे आसा. दीक्षा ' ह्या डिजिटल प्लेटफॉर्मावरवी हे प्रशिक्षण पुराय करचे अशें GSCERT न कळीत केलां. मुळावी साक्षरता आनी संख्याज्ञान ह्या विशयावेलो हो शिक्षणक्रम सगळयांनी पुराय करचो अशे परिपत्रक गोवा राज्य शिक्षक प्रशिक्षण संस्थेन जारी केलां. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० विद्यार्थ्यांच्या प्रगती वांगडाच शिक्षकांच्या प्रशिक्षणाचेर लेगीत तितलेंच लक्ष दिता. ताकालागून अशो प्रशिक्षण कार्यावळी मदीं मदीं चालूच आसतात. थेट पद्धतीन वा आभासी पद्धतीन भारत सरकारचे शिक्षण खाते हे प्रशिक्षण वर्ग आयोजित करतात.

ऑपरेशन सिंदूर वेळार नॅशनल कॅडेट कोर्प (एनसीसी) हांणी तोखणायेची भुमिका साकारली अशें उपराष्ट्रपती  सी.पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणला
ताणी आयज नवी दिल्लींत प्रजासत्ताक दिसा जाव्पी एनसीसी परेड कॅम्पक मार्गदर्शन केलें.bytes
 राष्ट्र निर्मिती आनी समाजीक जापसालदारकेच्या मळार एनसीसी कॅडेट मुखार आतले असो विस्वास ताणी उक्तायला.

फाटल्या 11 वर्सांत भारतांत इलेक्ट्रॉनिक्स उत्पादनांत स पटींनी वाड जाल्यार निर्गतांत आठ पटींनी वाड जाल्या अशे म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सोशल मिडियापोस्टात म्हणला .फाटल्या वर्सा फकत एपल कापनीन 5 हजार कोटी मोलाचे मोबायल फोन निर्गत केल्यात. देशांत अंदू 4 नवे इलेक्ट्रॉनिक्स कारखाने स्थापन करतले. सध्या ह्या क्षेत्रांत 25 लाख नोकऱ्यो मेळटात आनी कांय कंपनींनी एकाच कारखान्यांत 40 हजार मेरेन नोकऱ्यो दिवपाची तांक आसा अशें तांणी मुखार सांगलें.

हवामान 1५ फाटले कांय दीस गोंयांत शीं वाडलां. पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज  पणजेत चडात चड तापमान ३3 .8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १७.5  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३3.8  औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १८.६  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला .फुडले काय दिस  राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला तशेच पुडले स दीस गोंयांत उण्यांत उणें तापमान 20 ते 21 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय आसा

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज  पणजेत चडात चड तापमान ३3 .8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १७.5  औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.

. चेन्नयांत जाल्ल्या 11व्या राष्ट्रीय सिनियर लागोरी चॅम्पियनशिपांत दादल्यांच्या गोंय पंगडान वास्तद्पण जीखले जाल्यार बायलांचो पंगड उपविजेतो थरालो. दादल्यांच्या गटाचे निमाणे मॅचींत गोंय पंगडान उत्तर प्रदेशाचेर जैत मेळयलें.

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार